# माकडजोराची वासीनां करून घेवपाचो सल्लो

ता.23 एप्रिल 2018

03 वैशाख 1940

भलायकी सेवा संचालनालयान लोकांक माकडजोराआड खबरदारी घेवपाचो सल्लो दिला. संचालनालयान वाळपय, साखळी, धारबांदोडा, कासारवर्णे, बेतकी आनी मडकयच्या मुळाव्या भलायकी केंद्रात माकडजोराआडची वासीनां उपलब्ध केल्ली आसा. 6 ते 14 वर्सां पिरायेच्या मनशाक वासीनाचो अर्दो डोज जाल्यार 15 ते 65 वर्सां पिरायेच्या मनशाक पुर्ण डोज दितात. हो डोज 6 ते 9 म्हयन्या उपरांत आनी प्रत्येक वर्सा दितात. कर्नाटक, तामिळनाडू, केरळ, महाराष्ट्र आनी गोंयात माकडजोराचे दुयेती सापडल्यात.